**<u>सोरो विक्री आनी येरादारीचेर निर्बंध</u>**

ता. 20 एप्रिल 2021

मडगांव, सांगे, केपे, मुरगांव आनी म्हापशें ह्या पाच नगरपालिकांची वेंचणूक आनी कारापूर-सर्वण ग्रामपंचायत वार्ड- 2 आनी वेळ्ळी ग्रामपंचायत वार्ड- 4 खातीर पोटवेंचणूक जावपाची आशिल्ल्यान वेंचणूक जावपी नगरपालिकां आनी पंचायत वार्डांतली सगळीं परवानाधारक सोरो विक्रीची बार्रां आनी दुकानां ता. 22 एप्रिल 2021 दिसा शुन्य वरासावन ते ता. 23 एप्रिल 2021 दिसा म्हळ्यार मतदानाच्या दिसा मध्यांन्न रातीमेरेन आनी ता. 26 एप्रिल 2021 दिसा म्हळ्यार मतमेजणीच्या दिसा जंय मतमेजणी जातली त्या क्षेत्राभितर शुन्य वरासावन ते मध्यान्न रातीमेरेन बंद दवरपाचे निर्देश सरकारान दिल्यात. बार्र आनी रेस्टोरंट आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले.

तशेंच वयल्या काळांत संबंदीत क्षेत्रांत सोरो येरादारी वा लागी बाळगुपाकय निर्बंध लागू केल्लो आसून खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/423